## ताळगांव बाजार आनी सिमेत्री सामकार पे पार्किंग अधिसुचीत

ता. 26 सप्टेंबर 2025

उत्तर गोंय जिल्होधिकाऱ्यान ताळगांव पंचायत क्षेत्रात सेंट मायकल चर्च सिमेत्री सामकार आनी सापॉल बाजारात रस्त्याच्या दोनीय वटेन दोन चाकी आनी चार चाकी वाहनांखातीर पे पार्किंग जोगे अधिसुचीत केल्यात. दोन चाकी वाहनांक चार वरांखातीर 5/- रूपया, चार ते बारा वरांखातीर 10/- रूपया आनी बारा वरां आनी चोवीस परस कमी वरां खातीर 15/- रूपया जाल्यार चाकी वाहनांक चार वरांखातीर 20/- रूपया आनी फुडल्या प्रत्येक वराक 15/- रूपया शुल्क आसतले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/792

--

-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.